गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातं

पणजी-गोंय

पत्रक

**<u>वीज गिरायकांक तीन म्हयन्यांखातीर एफपीपीसीए लागू</u>**

ता. २२ ऑगस्ट २०१९

३१ श्रावण १९४१

राज्यातल्या वीज गिरायकांक वीजेच्या वापराचेर चालू त्रैमासिक म्हणजे जुलय, ऑगस्ट आनी सप्टेंबर ह्या तीन म्हयन्याखातीर इंधन आनी वीज खरेदी खर्च ताळमेळ मोल (एफपीपीसीए) फारीक करचो पडटलो. हे मोल वीज गिरायकांच्या वर्गवारी प्रमाण आसतले.

एप्रिल ते जून २०१९ ह्या तीन म्हयन्या खातीर हे मोल सरासरी प्रती युनिट १९.८१ पैसे आशिल्ले, जे एका युनीटा खातीर ९.३४ ते ४७.३० पैसे ह्या मर्यादेत आसा. हेच मोल चालू त्रैमासिक खातीर लागू आसतले.

वीज गिरायकांची गरज भागोवपा खातीर वीज खात्याक चड खर्चीक अतिरीक्त वीज खरेदी करची पडटा आनी ते खातीर इंधन आनी वीज खरेदी खर्च ताळमेळ मोल लागू करचो पडटा.

मा/वाप/एमएस/जॉन/विगा/प्रधु/२०१९/५३३

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA